# <u>गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्याची तयारी नेटान</u>

ता. 15 डिसेंबर 2021

राज्यांत गोंय मुक्ती दीस सुवाळयाची तयारी नेटान चालू आसून राज्य पांवड्यावयलो गोंय मुक्ती दीस सुवाळो ता. 19 डिसेंबर 2021 दिसा सकाळी 9.15 वरांचेर कांपाल पणजे बाल भवना सामकारच्या परेड मैदानाचेर जातलो. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत सुवाळयात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन संचलनाची पळोवणी करतले आनी मानवंदना दितले. उपरांत गोंयच्या जनतेक उद्देशून भाशण करतले. हे वर्स गोंय मुक्तीचें 60 वे वर्स आशिल्ल्यान मुक्ती दीस सुवाळयाक खास म्हत्व आसा.

राज्य पांवड्यावयल्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळयाक मंत्रीमंडळातले वांगडी, आमदार, उच्च न्यायालयाचे न्यायाधिश, एडव्होकेट जनरल, सरकारी सचीव, अधिकारी हजर रावतले.

महसूल, म्हायती आनी तंत्रज्ञानमंत्री श्रीमती जेनिफर मोन्सेरात, मुख्य सचीव आनी पुलीस म्हासंचालक मुख्यमंत्र्यांक सुवाळयाच्या थळार येवकार दितले.

तशेंच मडगांवा जिल्हा पांवड्याचेर जावपी मुक्ती दीस सुवाळयात उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले जाल्यार फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर जावपी मुक्ती दीस सुवाळयात कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले.

त्याच वांगडा तालुका पांवड्यावयल्या मुक्ती दीस सुवाळयात म्हापशें हांगा विज्ञान आनी तंत्रज्ञानमंत्री श्री. मायकल लोबो, वास्को हांगा पंचायतमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, पेडणे हांगा उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर, वाळपय भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे, केपे हांगा वीजमंत्री श्री. निलेश काब्राल, सांगे हांगा उदका स्त्रोत मंत्री श्री. फिलिप नेरी रॉड्रिग्स, काणकोणा उपसभापती आनी आमदार श्री. इजिदोर फर्नांडिस, दिवचल आमदार श्री. प्रविण झांट्ये, धारबांदोडे भौशीक बांदकाम मंत्री श्री. दिपक पाऊसकर तिरंगो बावटो हुबयतले.

गोंय मुक्ती दिसानिमतान राजभवन, पोरणे सचिवालय, पर्वरीचे नवीन सचिवालय, लेखा संचालनालय इमारतीचेर रोशणाय करतले. .

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1049

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji